०१.०२.०२०२५     सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र प्रादेशिक खबरा विभाग - प्रादेशिक खबरो

- अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आयज लोकसभेंत 2025-26 केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतली. नरेंद्र मोदी सरकाराचें तिसऱ्या कार्यकाळांतलो हो दुसरो अर्थसंकल्प आसतलो. 2019 वर्सा सत्तेर आयले उपरांत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांचें हे सेगीत आठवें अर्थसंकल्प सादरीकरण आसतलें. अर्थसंकल्प सादर करचे पयलीं काल संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी अर्थीक सर्वेक्षण मांडून अर्थवेवस्थेच्या कामगिरीचो एक नियाळ दिलो.

- २०११ वर्साचे जनगणने प्रमाण गोंयांत साक्षरतेचें प्रमाण ८८.७ टक्के आसा. देशांत साक्षरतेचें प्रमाण ७३ टक्के आसा. देशांचें तुळेंत गोंयांतलें साक्षरतेचें प्रमाण खूब चड आसा. केंद्रीय अर्थसंकल्पा पयलीं अर्थीक सर्वेक्षणाचो अहवाल संसदेंत सादर केलो. ही म्हायती अर्थीक सर्वेक्षणाच्या अहवालांत दिल्या. शेजारच्या महाराष्ट्रांत साक्षरतेचें प्रमाण ८२.३ टक्के, जाल्यार कर्नाटकांत ७५.४ टक्के आसा. गोंयचें साक्षरतेचें प्रमाण दर धा वर्सांनी वाडत रावलें. १९५१ वर्सा गोंयचें साक्षरतेचें प्रमाण २३.५ टक्के आशिल्लें. हाचे उपरांत १९६१ वर्सा ३५.४ टक्के, १९७१ वर्सा ५२ टक्के, १९८१ वर्सा ६५.७ टक्के, १९९१ वर्सा ७५.५ टक्के, २००१ वर्सा ८२ टक्के आशिल्लें आनी २०११ वर्सा ८८.७ टक्के जालें. राज्यांतलें साक्षरतेचें प्रमाण दशकां सावन वाडत आसा.

- राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या (एनईपी) कार्यवाही खातीर नवें शिक्षणीक वर्स 1 एप्रील सावन सुरू करपाचो इतिहासीक निर्णय शिक्षण खात्यान घेतला. यत्ता सवी ते धावी आनी बारावेचे वर्ग एप्रीलांत सकाळी 11.30 वरां मेरेन चलतले. 1 मे ते 3 जून मेरेन गिमाळी सुटी आसतली. उपरांत 4 जून सावन आदले लोवरी वर्ग सुरू जातले, शिक्षण संचालकान हे विशींचें

परिपत्रक जारी केला. नव्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण सप्तकात शिकोषपाचीं 36 ते ३२ वरा जावप गरजेचीं. हीं वरां भरून येवपाक एक तर शिक्षणीक दीस वाडोवचे पडटले वा शाळेचो वेळ वाडोवचो पडटलो. एप्रीलान उबाळ्याचे प्रमाण चड आसता. हाचो विद्यार्थी तशेच शिक्षकांक शिकोवपाक त्रास जातलो, हाका लागून एप्रीलांत शिक्षणीक वर्ग सुरू करपाच्या निर्णयाचो फेरविचार जावचो, अशी मागणी अखील गोय माध्यमीक शिक्षक संघटणेन केल्या हे विशीचे निवेदन संघटणेची अध्यक्ष सुरज विक्टोरिया हांणी शिक्षण संचालकांक दिलां विद्यार्थी तशेच शिक्षकाक जूनां वर्ग सुरू करपाची सवंय जाल्या गोयांत उबाल्याचे प्रमाण चड आसता. वर्ग उबाऊ वाडलो जाल्यार शिकोवपाक आनी शिकपाक आस जाता. हाका लागून जूनांत शिक्षणीक वर्स सुरू जावप हिताचें आसा, अशे विक्टोरिया हाणी म्हळा.

- शाळेतल्या सगळ्या वेव्हारां खातीर शिक्षण संचालनालयान आपार कार्ड विद्याथ्र्यां खातीर सक्तीचें केलां. शाळा बदलप, माधान्य आहार आनी हेर सरकारी येवजणेचो लाव आपार कार्डच्या माध्यमांतल्यानूच मेळटलो. देखून सगळ्या शाळांक विद्याथ्र्यांचें आपार कार्ड करपाक गती दिवपाचे निर्देश शिक्षण संचालनालयान दिल्यात.शिक्षण मळार डिजिटायजेशन करपा खातीर गोंय सरकारान विद्याथ्र्यांक बारा अंकी अपार वळख पत्र दिवपाचें घोशीत केल्लें.

- वेर्णा ते अंतरराष्ट्रिय विमानतळ मेरेन पुलाचें काम करताना दाबोळे हांगा जमनी पोंदची तेल पुरवण करपी पायप लायन फोडिल्ल्यान त्या सुवाते वयलें काम बंद दवरू येरादारी मार्ग बदलचो पडलो. पंपिंग सुरू नाशिल्ल्या हुसको करपा सारकें तशें कांयच घडले ना. पायप लायनीचो मार्ग दाखोवन लोगित कोत्रादारान तातुंत लक्ष घालें ना असो दावो झुआरी इंडियन ऑयल कांपनीच्या अधिकाऱ्यांनी केला. फुडल्या तीन दिसां भितर हें काम पुराय जातलें म्हणपाची म्हायती कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या.